**गोंय राज्य गिरायक हक्क आयोग हायब्रिड मोड पद्दतीन सुनावणी घेतले**

ता. 3 जुलय 2024

गोंय राज्य गिरायक आयोग 8 जुलय 2024 सावन जुन्ता हाऊस, पणजी हांगाच्या गोंय राज्य गिरायक आयोगाच्या कचेरीत हायब्रीड मोड पद्दतीन सुनावणी (फिजिकल/व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग) आयोजीत करतलो. वकील आनी पक्षकारांनी www.confonet.nic.in चेर आपल्या केसीची तारीख आनी वेळ पळोवन VC/हायब्रिड सुनावणीक हजर रावचे.

राज्य आयोगा सामकार VC वरवीं सुनावणीक हजर रावप्यांनी न्यायालयाक लागू आशिल्ल्या सगळ्यां सभ्य चलणूकांक आनी प्रोटोकॉलाक पाळो दिवपाक जाय. जो मेरेन तांकां तांचे सबमिशन करपाक आपयना तो मेरेन तांणी आपलो मायक्रोफोन म्यूट दवरचो. मोबायल फोन सायलेंट/स्विच ऑफ/विमान मोडाचेर दवरचो. VC सुनावणी वेळार कसलीय आडमेळ हाडपाचे टाळचे. सबमिशन करपाचे निर्देश दिल्या उपरांत फकत वरिश्ट अधिवक्ता/अधिवक्ता वा स्वता उपस्थित रावपी व्यक्तींनी मायक्रोफोन “चालू” मोडात दवरचो. हेर व्यक्तींनी आपले मायक्रोफोन म्यूट करचे. तशेंच क्रॉस-टॉक वा क्रॉस सबमिशन सदाच टाळचे.

व्हीसी सुनावणी सुरू जावचे पयली सगळें वकील आनी पक्षकारांनी आपली उपस्थिती VC सुनावणीच्या चॅट बॉक्सात दिल्ल्या फॉरमॅटात नोंद करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/281

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.